- वैचणूक आयोगान पयल्या टप्प्याच्या वेंचणुके खातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या उपरांत काल सार्वत्रिक वैचणुकेच्या पयल्या टप्प्यांखातीर उमेदवारी दाखल करपाक सुरवात जाली.
- वैचणूक आयोगान केंद्र, राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशा प्रशासनांक रेल्वे, विमानतळ अशा सरकारी मालमत्तेचेर आशिल्ले सगळे अनधिकृत राजकी पोस्टर बेगोबेग काडून उडोवपाचे निर्देश दिल्यात.
- रिझर्व्ह बँकेन सगळ्या बँकांक सरकारी कामकाज करपी तांचे सगळे फांटे आयतारा म्हणल्यार 31 मार्चाक उक्ते दवरपाचो सल्लो दिला.
- 7 जुलयाक जावपा आशिल्ली NEET PG परिक्षा आतां 23 जूनाक जातली.
- Swiss Open Badmintonत भारताच्या Kiran Georgeन दादल्यांच्या एकोडी गटांतल्या प्री क्वार्टरांत पावल घाला.

PM Startup-170

देशाच्या युवा शक्तीच्या नाविन्यपूर्ण भावनेन भारताची स्टार्टअप इकोसिस्टम अभूतपूर्व वेगान फुलता अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां. काल भारत मंडपमांत 'स्टार्टअप महाकुंभाक संबोधीत करतना, प्रधामंत्र्यांनी म्हळे आयज जेन्ना देश 2047 मेरेन विकसीत भारता खातीर रोडमॅपचेर काम करता तेन्ना ह्या स्टार्टअप महाकुंभाक व्हड म्हत्व आसा. फाटल्या दशकांत भारतान आयटी आनी सॉफ्टवेअर क्षेत्रांत कशी उदरगत केल्या तें पळयलां आनी आतां लोक भारतातल्या नाविन्यपूर्ण आणि स्टार्ट-अप संस्कृतीचो कल पळयता. स्टार्टअप इंडिया उपक्रमान नाविन्यपूर्ण कल्पनांक एक मंच दिला आनी तांकां निधी कडेन जोडला असो उल्लेख मोदी हांणी केला. भारताच्या तरणाट्यांनी नोकरी सोदपा परस नोकरी निर्माण करपी जावपाचो मार्ग वेंचला अशें तांणी सांगलें.

सध्या भारतांत 1.25 लाखां परस चड स्टार्टअप आनी 110 युनिकॉर्न आसात अशे तांणी मुखार सांगले. भारताच्या स्टार्टअप क्रांतीचे नेतृत्व आज देशातल्या लहान शारांतले तरुण करता अशे मोदीं हाणी नमूद केले. आज कृषी, वस्त्रोद्योग, वैजकी, येरादारी, अंतरिक्ष आनी योग आनी आयुर्वेदांत लेगीत स्टार्टअप सुरू जाल्यात हाची खोस तांणी उक्तायली. 2047 मेरेन विकसीत राष्ट्राचें ध्येय साकार करपा खातीर स्टार्टअपांचें म्हत्वाचें योगदान आसा अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. वैचणूक आयोगान पयल्या टप्प्याच्या वैचणुके खातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या उपरांत काल सार्वत्रिक वेंचणुकेच्या पयल्या टप्प्यांखातीर उमेदवारी दाखल करपाक सुरवात जाली. ह्या टप्प्यांत 19 एप्रीलाक 17 राज्यां आनी चार केंद्र शासित प्रदेशांतले वह 102 संसदीय मतदारसंघानि मतदान जातले. ह्या म्हयन्याचे 27 मेरेन अर्ज दाखल करूं येतात. पूण बिहारा खातीर उमेदवारी अर्ज दाखल करपाची निमाणी तारीक ह्या म्हयन्याची 28 आसा. उमेदवारी अर्जाची छाननी 28 तारखेक जातली आनी उमेदवारी फाटीं घेवपाची निमाणी तारीक 30 मार्च आसा. जाल्यार बिहारांत उमेदवारी अर्जाची छाननी ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक जातली आनी उमेदवारी फाटीं घेवपाची निमाणी तारीक 2 एप्रील आसा. ते भायर सिक्किम आनी अरुणाचल प्रदेशांतल्या विधानसभा वेंचणुकां खातीरय अधिसुचोनि जारी केल्ल्या. दोनूय राज्यांनी 19 एप्रीलाक मतदान जातलें आनी 2 जूनाक मतमेजनी जातली.

**PUNJAB-FIRST TIME VOTERS - 45**

पंजाबांत लोकसभा वेंचणूक 2024 खातीर मतदान सातव्या आनी निमाण्या टप्प्यांत 1 जून दिसा जातलें. हे वेंचणुकेची अधिसुचोवणी 7 मे दिसा जारी जातली. राज्यांत वह मतदारांची संख्या 2 कोटी 12 लाखां परस चड आसा, तातूंतले चार लाख 90 हजारां परस चड मतदार पयलेच खेपे मताधिकारचो उपेग करतले.

**TELANGANA-CENTRAL FORCES - 105**

**तेलंगणात लोकसभा वैचणुकेचे फाटभुयेर केंद्रीय पुलीस दळाच्यो सुमार 40 कंपन्यो राज्यांतल्या वेगवेगळ्या जिल्हयांनी पावल्यात. मोकळ्या वातावरणांत लोकांनि मतदानाचो हक्क वापरू येता हाची खात्री करपा खातीर पुलीस कर्मचाऱ्यांनी वेगवेगळ्या सुवातेर फ्लॅग मार्च केले अशी म्हायती वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी दिल्या. काल खम्माम आनी नलगोंडा वाठारांत केंद्रीय दळ आनी राज्य पुलिसांनी फ्लॅग मार्च केले. लोकांक मुक्त वातावरणांत मताधिकार वापरपाक मेळतलो खात्री करून दिवपा हे खातीर फ्लॅग मार्च काडतात अशें खम्मम पुलीस आयुक्त सुनील दत्त हांणी सांगलें. कायदो आनी सुवेवस्थेचो कसलोच प्रस्न उप्रास नासतना संसदीय वेंचणूक पारदर्शक पद्दतीन जावची हे खातीर वेवस्था सुरू आसा आनी संवेदनशील मतदान केंद्रांनी आदींच नियोजना सयत खर सुरक्षा उपाय केल्यात अशें तांणी सांगलें.**

**TELANGANA-CROP DAMAGE - 85**

**5/1/4/ UHsion तेलंगणाचे कृषी मंत्री टी. नागेश्वर राव हाणी राज्यातल्या अवकाळी पाऊस आणि गारपिटीकी लागून जाल्ल्या पिकांच्या नुकसानीखातीर शेतकऱ्यांकी मदत करपाचे आश्वासन दिला. या शेतकऱ्यांक राज्य सरकार मदत करतळे अशे तांणी सांगले. राज्यात सुमारे दहा जिल्हयांनि पिकांचे लुकसान जाला. कामारेड्डी जिल्हयात हालींच अवकाळी पाऊस आणि गऱ्यांचो पावस पडलो. कृषीमंत्र्यांनी सांगले की, मुख्यमंत्री ए. रेवंत रेड्डी हाणी अधिकाऱ्यांक पिकांच्या नुकसानीचे मूल्यांकन करपाचे निर्देश दिल्या. मजगतीं, तेलंगणा नियोजन आयोगाचे उपाध्यक्ष जी. चिन्ना रेड्डी हांणीय सांगलें, सरकारान लुकसाण जाल्ल्या शेतकारांक मजत करपाचो निर्णय घेतला आनी मुख्यमंत्र्याने हे संबंदी अधिकाऱ्यांक अहवाल सादर करपाक सांगलां.**

**BANKS-31ST MARCH - 65**

**रिझर्व्ह बँकेन सगळ्या बँकांक सरकारी कामकाज करपी तांचे सगळे फांटे आयतारा म्हणल्यार 31 मार्चाक उक्ते दवरपाचो सल्लो दिला. सरकारी पावती आनी फारीकणी संबंदीत वेव्हारा खातीर 31 मार्चाक सगळ्या बँकांनी उक्ते दवरपाची विनंती केल्या उपरांत हो सल्लो दिला. जेणे करून पावती आनी फारीकणी संबंदीत सगल्या सरकारी वेव्हाराचो हिशोब फकत चालू अर्थीक वर्सा करूं येता. ह्या दिसा बँकींग सेवा उपलब्ध आसा हाचे विशीं बँकांनि फावो ती प्रसिध्दी दिवची अशें आरबीआयन मुखार सांगलां. NEET - 65**

**पयलीं 7 जुलयाक जावपा आशिल्ली NEET PG परिक्षा आतां 23 जूनाक जातली. राष्ट्रीय वैजकी आयोगान जाहीर केल्ल्या अधिसुचोवणेंत म्हणलां की #NEETPG खातीर पात्र जावपा खातीर इंटर्नशिप पुराय करपाची कटऑफ तारीक मात 15 ऑगस्टच आसतली. 15 जुलयाक निकाल जाहीर जातलो जाल्यार 16 सप्टेंबराक शिक्षणीक सत्र सुरू जातलें. मजगतीं, वेंचणुकेक लागून पयलीं 24 मे दिसा आशिल्ली श्रेष्ठा (नेट्स)-2024 परिक्षा 11 मे क जातली अशें राष्ट्रीय चांचणी एजन्सींन सांगलां.**

**LADAKH-CARBON NEUTRAL UT-130**

**लद्दाखा देशांतलो कार्बन तटस्थ केंद्र शासित प्रदेश करपा खातीर जायते उपक्रम सुरू आसात. ह्या उपक्रमांचो एक भाग म्हूण येरादारी क्षेत्रान रस्त्यांचेर शून्य उत्सर्जन वाहनांक चालना दिवपाक सुरवात केल्या. राष्ट्रीय थर्मल पावर कॉर्पोरशनच्या सहकार्यान हायड्रोजन सेल इंधन बशी लोकां मुखार हाडपाचीय येवजण खातें आंखता. येरादारी आयुक्त अमित शर्मा हांणी दिल्ले म्हायती प्रमाण राष्ट्रीय थर्मल पावर कॉर्पोरश आनी येरादारी खात्या मदीं बेगीनूच एमओयू जातले. ह्या संघराज्यांत तीन आनी चार चाकी इलेक्ट्रीक वाहनांचो यशस्वी चांचण्यो जाले उपरांत लोकांक इलेक्ट्रीक वाहनां वापरपाक प्रेरित करतले.**

ह्या विशयाचेर येरादारी खाते गरजेचीं सत्रां आनी जागृताय कार्यावळी घडोवन हाडटात. फाटल्या वर्सा ऑगस्ट आनी सप्टेंबर म्हयन्यांत तीन आनी चार चाकी इलेक्ट्रीक वाहनांची यशस्वी चांचणी जाल्ल्यान प्रशासनाक माल येरादारी खातीरय इलेक्ट्रीक वाहनांचो वापर करपाची प्रेरणा मेळ्ळी. येरादारी खात्यान 19 मार्चाक लेह हांगा ह्या विशयाचेर सगळ्या भागधारकां खातीर अर्द दिसाची कार्यशाळा घडोवन हाडिल्ली.

बॅडमिंटन ८०

स्विस ओपन बॅडमिंटन सर्तीत, भारताच्या किरण जॉर्ज हांणे काल राती दादल्यांच्या एकोड्या गटात प्री-क्वार्टर फेरीयेत पावल घाले. तांणे पयल्या फेरीयेत जपानच्या चरदा फरकान ताकुमा ओबायाशी २१ आड १८, २९आड१९ अशें हास्यले. हा आनीक एक भारतीय खेळगडो, प्रियांशू राजवत हांणेय हाँगकाँगच्या ली चेउक यिऊ हांका २१ आड १२, यया फरकान Pre-quarter સુવાત મેળપભો २१ आड१५ अशें हारोवन उप-उपांत्यपूर्व फेरीयेत पावल घाले. तेआदी, सतीश कुमार करुणाकरन आनी आद्या वरियाथ हांणी मलेशियाच्या रॉय किंग याप आनी व्हॅलेरी सिओवर हांका 21-18, 11-21, 21-19 अशें जैत मिळोवन मिश्र दोट्टीच्या उप उपांत्य फेरीयेत पावले. पावल झाल